**शिरोडकर हांणी मळ्यातल्या तळ्याची पळोवणी केली**

ता. 18 मे 2022

उदका संसाधन मंत्री श्री सुभाष शिरोडकर हांणी आयज मळा पणजी हांगा भेट दिवन स्मार्ट सिटी मिशनाअंतर्गत पूर नियंत्रण उपाय येवजण आनी पूराचे उदक उसपुपाच्या पंपिंग स्टेशनाच्या बांदकामाची पळोवणी केली.

उदका संसाधन खात्याचे मुखेल अभियंता श्री प्रमोद बदामी हांणी उदका संसाधन मंत्री श्री शिरोडकर हांका कामाच्या प्रगतीची म्हायती दिली.

श्री. शिरोडकर हांणी पावसाळ्यात मळा वांठारांत येवपी पुराच्या घटनांबाबतीत हुस्को उक्तावन पूराच्यो घडणूको टाळपाखातीर आवश्यक उपाय करपाची गरज आशिल्ल्याचें सांगलें.

पूर नियंत्रण उपाय येवजणेचे काम फुडल्या वर्सा मार्च मेरेन पुराय जातले, पुण पूराचे उदक उसपुपाच्या पंपिंग स्टेशनाचे काम बेगीनात बेगीन पुर्ण करपाक तांणी संबंदीत अधिकाऱ्यांक सांगलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/353

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji